31.07.2025 at 7.25 am

आकाशवाणी पणजी

गणेश 120

भू नक्षा जमीन आरेखनात जाल्ले फेरफारीची चवकशी जावन दोर्शचिर कारवाय जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. भूनक्षा जमीन आरेखनात फेरफार जाल्या आनी नदरेक आयले उपरांत फावो ते बदल केल्यात, अशें येणावळ खात्याचे मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी सांगलें. येणावळ, विज्ञान तंत्रगिन्यान, कोयर वेवस्थापन खात्याच्या मागण्यांचेर सभाघरात चर्चा जावन तांका मान्यताय दिली. भूनक्षा जमीन आरेखनान फेरफार जाल्ल्याचे नदरेक आयले उपरांत खात्यान संबंधीत बांदकामाचे प्रकारात बदल केला, अशें बाबूश मोन्सेरात हांणी सांगलें. चर्चेत हस्तक्षेप करताना या प्रकाराच चवकशी जावन दोर्शचिर कारवाय जातली, अशें आस्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले. तिसरो जिल्हो स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसलो तरी आजून मेरेन निर्णय जावंक ना, अशें तांणी सांगलें. येणावळ खात्याच्या सगळ्या सेवां खातीर एक खिडकी पद्दत सुरू जातली. अनधीकृत बांदकामा नेमीत करपाची प्रक्रीया आनीक सोपी जातली, अशें मंत्री मोन्सेरात हांणी सांगलें.

रश्मी 85

जुवेचो पुल सामको बाबत स्थितीन आसा, हो पुला जाता तितल्या बेगीन सराकारन बांदुन दिवचो अशी मागणी शुन्य वराक आमदार विरेश बोरकार हांणी केली. ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी पुलाच्या दुरुस्तीचे काम बेगोबेग सुरु करता तशेंच फेब्रुवारी मेरेन नव्या पुलाच्या कामाक सुरुवात करता अशे उतर दिले. मजगती विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयच्या वेगेवगळ्या पुलिस स्टेशनांनी ९० टक्के पुलिसांचो उणाव आसा अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले byte

मजगती मुखेलमंत्र्यान १५ ऑगस्टा उपरांत पुलिस भरती करता अशे आस्वासन दिले byte

गणेश 80

वॅटा सयत वेपारी तशेंच डीलरांचें थकीत शुल्क फारीक करपा खातीर तांकां निमणी संद दिवपाची तजवीज आशिल्ली गोंय शुल्क थकबाकी वसुली दुरूस्ती विधेयक सभाघरांत सादर जालां. १ जुलय २०१७ सावन पुराय देशांत जीएसटी लागू जालो. ह्यान पयलीं बरेच वेपारी तशेंच डीलरां कडल्यान वॅट तशेंच हेर शुल्काची थकबाकी आसा. कळाव शुल्कांत सवलत दिवपा सयत शुल्क फारीक करपाची संद मेळपा खातीर सरकारान गोंय शुल्क थकबाकी वसुली

कायदो २०२३ संमत केलो. गोंय शुल्क थकबाकी वसुली कायदो २०२३मदीं कलम ८ ए आनी कलम १४ ह्या नव्या कलमांचो आस्पाव केला.

सुभाष 70

सगळ्यो शाळा आनी म्हाविद्यालय तंबाखू मुक्त जावचे म्हणून विद्यार्थी, पालक, शिक्षक आनी हेर संबंदीत पक्षांनी जागृताय करची अशें फोंडा प्राथमीक भलायकी केंद्राचे वैजकी अधिकारी डॉ.शुभादा तलवडकर हांणी सांगलें. सुपारीच्या व्यसनांतल्यान गुटखा मेरेन आनी मागीर तंबाखूच्या व्यसनांतल्यान हो प्रवास सगळ्यांचे भलायके खातीर हानीकारक आसा. तोंडाचो कॅन्सर आनी हेर जायते रोग तंबाखूच्या व्यसनांतल्यान निर्माण जातात अशें तिणें सांगलें. विद्यार्थी पिराये सावन सुरू जावपी हें व्यसन मुळा सयत ना करपाचें आसल्यार दरेक शाळा तंबाखू मुक्त आसची पडटली अशें तिणें सांगलें.

रश्मी 80

केंद्रिय गृहमंत्री अमित शाहा हांणी ऑनलायन मालमत्ता फटवणुकी संदर्भात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या पत्रवेव्हाराचेर  बेगोबेग कारवाय करून मुंबयतल्या EOB मार्फत गुन्याव दाखल केल्याबद्दल मुखेलमंत्र्यान अमित शाहा हांचे उपकार मानल्यात. तशेंच आपणे बरयिल्लया पत्राची जाप कोंकणी भाशेंत दिल्याबद्दल मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी खोस उक्तायल्या byte

स्पोर्ट्स 20

गोंय बास्केटबॉल संघटणेन आयोजीत केल्ल्या राज्य पावडया वेल्या कनिश्ट बास्केटबॉल सर्तीत डीबीओ फातोर्डा पणजी 'अ', सोनिक्स आनी एनसीएस वास्को पंगड उपांत्य फेरयेंत पावल्या .

हवामान 40

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसात मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयात हल्को ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला . तशेच वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे खात्यान कळीत केला .